# संसाधन कार्यक्षमता धोरण आशिल्ले गोंय देशातले पयले राज्य

ता. 28 फेब्रुवारी 2020

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी हालीच भारतातले युरोपीयन युनियनचे अम्बासेडर श्री. युगो आस्टुतो हांच्या हाजिरीत गोंयात संसाधन कार्यक्षमता आनी अर्थवेवस्थेक उर्बा दिवपाच्या धोरणाचो शुभारंभ केलो. अशें धोरण तयार करपा बाबतीत गोंय राज्याक अग्रेसर करपाची येवजण आसा. संसाधन कार्यक्षमता आनी अर्थवेवस्थेच्या मळार योग्य नियोजन करून राज्यात संसाधनांच्या नियोजीत वेवस्थापनाक चालना दिवपाचो आसपाव ह्या धोरणात आसा.

नियोजन, सांख्यिकी आनी मुल्यांकन खात्यान ऊर्जा आनी संसाधन संस्था आनी युरोपीयन युनियन संसाधन कार्यक्षमता उपक्रमाच्या जोडपालवान आयोजीत केल्ल्या कार्यक्रमाक नियोजन, सांख्यिकी आनी मुल्यांकन खात्याचे संचालक डॉ. वाय. दुर्गाप्रसाद आनी भारतातल्या युरोपीयन युनियन प्रतिनिधी मंडळाचे पर्यावरण, ऊर्जा आनी हवामान बदल सल्लागार हेनरित फेयर्जमन हजर आशिल्ले.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी संसाधन कार्यक्षमता आनी अर्थवेवस्थेचेर राज्य धोरण तयार करपाक गोंय राज्याक प्रोत्साहन दिल्ले खातीर निती आयोगाचे उपकार मानले आनी अशें धोरण तयार करपाक फुडाकार घेतिल्ले खातीर नियोजन, सांख्यिकी आनी मुल्यांकन खात्याचे अभिनंदन केले.

युरोपीयन युनियनचे अम्बासेडर श्री. युगो आस्टुतो हांणी संसाधन कार्यक्षमता आनी अर्थवेवस्थेचेर धोरण तयार करपा गोंय राज्याक सहकार्य करपाक आमका खुप उमेद जाता, अशें म्हणले.

कार्यक्रमात पर्यटन, बांदकाम, नागरी समाज, कोयर वेवस्थापन, सागरी संपत्ती, वेवसाय आनी हेर विशयांचेर जाल्ल्या चर्चेत गोंयच्या उद्देग समुहांच्या प्रतिनिधीनी वाटो घेतिल्लो.

श्रीमती अश्विनी हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी नियोजन, सांख्यिकी आनी मुल्यांकन खात्याचे उपसंचालक श्री. फुर्तादो हांणी उपकार मानले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/191

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA